भुरग्याक पवित्र पुस्तक
सादर करपी



# नेहेमियाची व्हड वणट

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Jonathan Hay
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Mary-Anne S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

पर्शिया हें एक बळिश्ट राश्ट्र, संवसाराचेर राज्य करतालें. आनी राजा आर्टाशेरसेस पर्शियाचेर राज्य करतालो. ताका लागून तो संवसारांतलो सगळ्यांत बळिश्ट राज्यकर्तो जालो. राजाचो एक म्हत्वाचो सहाय्यक म्हळ्यार नेहेमिया नांवाचो एक ज्यू मनीस. राजाक शक्य आशिल्ल्या विखापसून राखण दिवपा खातीर, राजाच्या जेवणाची चव घेवप हें ताचें काम आशिल्लें.



एक दीस नेहेमिया खूब दुख्खी मुखामळ करून राजा मुखार आयलो. राजाक कितें जालां तें कळपाक जाय आशिल्लें. “हे राजा, तूं सदांकाळ जिये” नेहेमियान म्हणलें. “म्हाका दुख्ख जाता कारण म्हज्या बापायक पुरलेलें शार भग्नावशेश जालां आनी दारां जळ्ळयात.”



नेहेमिया जायत्या वर्सां आदीं झुजाक लागून नश्ट जाल्ल्या जेरुसलेम विशीं उलयतालो.

राजा आर्टाशेरसेसान विचारलें, “तुका कितें जाय?” “म्हाका जेरुसलेमांत वचूंक दि, तांकां परतून बांदपाक” अशें नेहेमियान विनवणी केली. राजा आर्टाशेरसेसान दयाळपणान मान्य केलें. तशेंच ताणें नेहेमियाक भोंवतना ताची राखण करपाखातीर अधिकृत पत्रां दिलीं.



राजान आनीकय आदार केलो. ताणें नेहेमियाक राजाच्या रानांचे राखणदार आसाफाक एक पत्र दिलें. शाराच्यो वण्टी बांदपाखातीर नेहेमियान सांगिल्लें तितलें लांकूड दिवपाचो आदन्या आसाफाक दिलो.



नेहेमिया जेरुसलेमांत पावलो तेन्ना ताणें शाराच्या अधिकाऱ्यांक एकठांय करून म्हणलें, “आमी हांगा संकश्टांत आसात. शार भग्नावशेश जालां आनी दारां जळ्ळयांत. परत बांदपाक सुरवात करूंया.” ताणें तांकां सांगलें की राजाची मान्यताय मेळ्ळी आनी सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हणल्यार देव तांचे वटेन आसा.



नेहेमियाच्या भावार्थान आनी उमेदीन लोकांक प्रेरणा मेळ्ळी आसूंक जाय. “बांदूंया” अशें म्हणत तांणी मान्य केलें. नेहेमियान दर एका कुटुंबाक वण्टीचो खंयचो कुडको सुदारचो तें सांगलें.




पूण, वण्टी परतून बांदपाक सगळ्यांनी मान्य केलें ना.
सनबलात नांवाचो एक मनीस आनी ताचे दोग इश्ट तोबिया
आनी गेशेम, ज्यू नाशिल्ले आनी
तांकां वण्टी परतून बांदची
वा दारां सुदारचीं
नाका आशिल्ले.

काम चालू आसतना सनबलाताक खूब राग आयलो. ताणें आनी ताच्या इश्टांनी ज्यू लोकांची फकाणां केलीं. टोबियान म्हणलें, “ते ल्हान वण्टी बांदून सोंपतकच एक ल्हान कोलो ती मोडून उडयतलो.” नेहेमियान जाप दिली ना. ताचे बदला देवा तूं तांचे कडेन वेव्हार कर अशें ताणें मागणें केलें.



जेन्ना तांच्या फकाणां करपी अपमानांचो कसलोच परिणाम जालो ना तेन्ना तांणी जेरुसलेमा आड झुजपाक आनी तांकां शक्य तितले त्रास दिवपाक एकठांय कट केलो. परतून नेहेमियान देवाचो आदार मागलो. तशेंच हल्ल्या खातीर तयार आसपाक ताणें दीस रात राखणदार दवरले.



ज्यू लोकांनी इतलो कश्ट केलो, ते थकपाक लागले. काम करतना दुस्मान येवन मारतले असो भंय कांय जाणांक पडलो. तरी लेगीत नेहेमिया हे काम थांबवचो ना. ताणें कामगारांक राखणदार दवरले आनी तांकां उगडास करून दिलो की देव तांच्या वटेन आसा आनी देव खंयच्याय दुस्माना परस चड बळिश्ट आसा!



नेहेमियान
एक बरी देख
जावपाचो यतन
केलो.

राजा आर्टीशेरसेसान
ताका जेरुसलेमाचो
राज्यपाल केलो आनी
ताका लोकां कडल्यान
अन्न आनी पयशे
मागपाचो अधिकार
आशिल्लो, पूण ताणें तें
केलें ना.





फकत लोकां वांगडा
वण्टी परतून बांदतना
ताणें कश्ट घेतले.
स्वताच्या पयशे तो
अन्न विकतें घेवपाक
वापरतालो.

निमाणें लोकांनी वण्टी सोंपयली आनी फकत मुखेल दारांत, दारां घालचीं उरलीं. सानबल्लेत, तोबिया आनी गेशेम हांकां कळ्ळें की आतां वण्टींनी अंतर ना, तेन्ना तांणी नेहेमियाक हानी करपाची येवजण आंखली.



तांणी नहेमियाक ओनो नांवाच्या जाग्यार मेळपाक संदेश धाडले. पूण नहेमियाक कळें की ते ताका शारा भायर फटोवपाचो यतन करतात, ताका हानी करपाक. ताणें तांकां परतून बरयलें की आपूण काम सोडून तांचे वांगडा भेट दिवपाक वचचो ना.




निमाणें वण्टी सोंपली आनी नेहेमियान
तिची राखण करपाक राखणदार दवरले.


सूर्य उदेल्या बऱ्याच काळा उपरांत दार उगडचे असोय नेम ताणें केलो.
रातभर दारां बंद करून बंदी घालपाची आशिल्ली.

आतां शार सुरक्षीत आशिल्ल्यान, संवसारांतल्या वेग वेगळया वाठारांतल्यान जायते ज्यू जेरुसलेमांत परतले. सगळे त्रास आनी समस्या आसून लेगीत देवान दिल्लें काम ताणें पुराय केल्ल्यान नेहेमियाक खूब खोस जाल्ली आसूंक जाय. तो जेरुसलेमांत रावलो आनी लोकांक सदांच देवाचें आदन्या पाळपाक आदार केलो.



नेहेमियाची व्हड वणट

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

नेहेमिया

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16